**Panaji Regional**

**14th May 2025 7.20pm**

आपत्ती निवारण प्रशीक्षण- **150**

कसल्याय तरेची आपत्ती जाली तरी ताका तोंड दिवपाक पुलीस तशेच आपत्ती वेवस्थापन फाट्यान तयार आसपाक जाय. आपत्ती वेवस्थापनाच्या तयारे खातीर पुलीस, दोतोर तशेच हेरां खातीर दर वर्सा प्रशिक्षणाची कार्यावळ आयोजीत करपाक जाय, अशें मुखेल सचीव डॉ. व्ही. कांडावेलू हांणी म्हणला. आल्तिनो हांगा राष्ट्रीय आपत्ती निवारण दल आयोजीत प्रशीक्षणाच्या समारोपाच्या कार्यावळीत ते उलयतालें.एनडीआरएफान गोंयांत आपत्ती वेवस्थापना खातीर प्रशीक्षण आयोजीत केल्ले. पोलीस, दोतोर आनी उजो पालोपी दळाचे जवान मेळोन 200 वेर अधिकाऱ्यांनी प्रशिक्षणात वाटो घेतलो. प्रशीक्षण पुराय केल्ल्या पोलीस तशेच अधिकाऱ्यांक प्रमाणपत्रांचे वाटप जाले. मुखेल सचीव डॉ. व्ही. कांडावेलू मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले. पोलीस म्हासंचालक आलोक कुमार, एनडीआरएफाचे डेप्युटी कमांडंट अशोक कुमार तशेच हेर अधिकारी कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले. राज्य आपत्ती निवारण हो एक वेगळो फाटो आसपाची गरज आसा. हे विशी सरकाराक प्रस्ताव सादर जातलो. आपत्ती वेवस्थापना खातीर उपकरणांची लेगीत खरेदी जातली, अशें हे वेळार पोलीस म्हासंचालक आलोक कुमार हांणी सांगलें. डेप्युटी कमांडंट अशोक कुमार हांणी प्रशीक्षण कार्यावळीची म्हायती दिली.

---

**COP DIP –**

पावसाळ्यांत मलेरिया, डेंग्यू, आनी चिकनगुनिया सर्किल वाजेक्टर बॉर्न रोग जावंचे न्हय म्हून कॅप्टन ऑफ पोर्ट्स हाणी बार्ज मालक, वॉटरस्पोर्टस बोटी मालक, डॉक, जहाज दुरुस्ती आनी उत्पादन यार्ड, बोटी मालक आनी हेर सगळ्या बोटी मालकांक पावसाळ्यांत बेगीनात बेगीन, प्रतिबंधांतात्मक उपाय योजना करपाचे निर्देश दिल्यात. हातूंत बार्जीच्या कार्गो हॉलदांत, पावसाचे उदक साचून ऊरचे न्हय आनी अशे तरेन साचिल्ले उदक बार्जीतलयान नेमानं भायर काडपाचो

**CJI GAVAI-OATH - 65**

न्यायमूर्ती भूषण रामकृष्ण गवई हाणीआज भारताचे ५२ वे सरन्यायाधीश म्हणून सोपूत घेतलो. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी आयज सकाळीं राष्ट्रपती भवनांत जाल्ल्या खाशेल्या सुवाळ्यांत न्यायमूर्ती गवई हांकां पदाचो सोपूत दिलो.

न्यायमूर्ती बी. आर. गवई हाणी न्यायमूर्ती संजीव खन्ना हांची सुवात घेतली. ते काल निवृत्त जाले. उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, जायते

केंद्रीय मंत्री, आनी सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश हे सुवाळ्याक हाजीर आशिल्ले.

**Rashmi – 150**

शिरगांवा चेंगरीचेंगरी विंशी सरकारान महसुल सचिव संदिप अध्यक्षतायेखाला नेमिल्या समितीन दोन दिसा पयली चेंगराचेंगरी जावपाच्या कारणाचो फेक्ट पायम्डींग अहवाल सराकराक दिला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

अशिर रस्तो, गरजेपरस चड स्टोलांक पंचायतीन दिल्ले परवाने, गर्दी नियंत्रणात दवरपाकातीर योग्य पावला उबारुक नाशिल्यान, पुलिसांचे एका मेकांकडे नाशिल्लो संपर्क, तशेचं कांय धोणांची बेशिस्तपणाक लागुन शिरगांवा जात्रेक चेंगराचेंगरी जाली अशी म्हायती ह्या अहवालात मेळ्या अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

प्रथा आनी परंपरा सामाळुन फुडारात राज्यात चड भाविक येवपी सण , तशेच जात्रा आनी धर्मिक हेर सुवाळ्यावेळार खासा भारतीय न्याय संसहिता काय्द्यावरवी खासा माग्रदर्शक तत्वा सराकर चालीक लायतले. हे शिवाय अशा वेळार सीसीटीव्ही, वोच टावरवरवी देखरेख दवरतले, जे अधिकारी हे खातीर जवाबदार आसात तांका कारणा दाखया नोटीस काय दिसानी धाडयले, फुडल्या जात्रेमेरेन अशिर रस्तो रुंद करतले, तशेचं फुडल्या जात्रे पयली धोणांची तळी ते होमखण मेरेन रस्तो राखीव दवरतले, थंयच्यार हेर भाविकांक यो वच करपाक मेळची ना अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

**Ganesh – 110**

गोंय कर्मचारी भरती आयोगा कडल्यान ज्युनियर स्टेनोग्राफर पदाची दुसरी सीबीटी परिक्षा (सीबीटी-3) आग्नेल इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी, आसगांव आनी रोझरी कॉलेज, नावेली - मडगांव अशा दोन केंद्रांनी जातली. ही परिक्षा आयतारा 25 दिसा सकाळीं 9.15 ते 10.30 मेरेन जातली. आयोगान पयलीं सीबीटी-3 परिक्षेची तारीख जाहीर केल्ली पूण आतां केंद्रां आनी वेळ जाहीर केला. उत्तर गोंयांत आग्नेल इन्स्टिट्यूट आनी दक्षीण गोंयांत रोजरी कॉलेज अशीं दोन केंद्रां आसात. ॲडमीट कार्ड उमेदवारांक ईमेल वरवीं धाडल्यात आनी आनीक दोन दिसांनी आयोगाच्या संकेतथळारय ते मेळटले अशी म्हायती आयोगाच्या अधिकाऱ्यांनी दिली. 60 गूणांच्या पेपराक 75 मिनटां वेळ आसतलो. पेपर सकाळीं 9.15 वरांचेर सुरू जातलो. पूण उमेदवारांनी सकाळीं 8.30 ते 9.00 वरां मजगतीं परिक्षा केंद्रांत हाजीर आसपाक जाय.

**Subhash – 125**

गोयातल्या अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमातीच्या प्रतिभावान विद्यार्थ्यां खातीर 2024-25 वर्साची तालुक्या पांवड्यार दिवपाची लॅपटॉप येवजण सरकारन जाहीर केल्या. गोंय माध्यमीक शिक्षण मंडळाचे धावेचे परिक्षेंत 70 टक्के आनी ताचे वयर गूण मेळोवपी विद्यार्थी हे येवजणे खातीर पात्र थारतात. दरेका तालुक्यांतल्यान पांच चलयो आनी पांच चले हे येवजणे खातीर पात्र थारतले. ही येवजण इन्फोटेक कॉर्पोरेशन गोवा लिमिटेड महामंडळान जाहीर केल्या. हे येवजणे खातीर पात्रतायेचे निकश अशे आसात: लॅपटॉप येवजण फकत गोंयांत जल्मल्ल्या अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमातींतल्या विद्यार्थ्यां खातीर आसा. हे येवजणे खातीर पयल्या यत्नांत धावेची परिक्षा पास जावप गरजेचें आसा. 70 टक्के आनी ताचे वयर गूण मेळिल्ल्या विद्यार्थ्यांकच हे येवजणे खातीर अर्ज करपाक मेळटले. हे लॅपटॉप येवजणे खातीर पात्र आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांनी बेगोबेग इन्फोटेक कॉर्पोरेशन गोवा लिमिटेड महामंडळाकडेन संपर्क सादचो अशें तांणी जारी केल्ल्या परिपत्रकांत म्हळां.

**Weather –**

नैॠत्य मौसमी पावस आयज दक्षिण बंगालच्या खाडी, अंदमान दर्या, आनी निकोबार जुवे दर्याच्या कांय वाठारांनी फुडें सरला. फुडले तीन-चार दीस मौसमी पावस मुखार सरपाखातीर परिस्थिती अनुकूल आसा अशें भारतीय हवामान खात्यान सांगलां . फाल्यां मेरेन मध्य महाराष्ट्र कोंकण आनी गोंयांतल्या काय सुवातेर गडगड आनी जोगला सयत पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला ईतले मजगतीं हवामान खात्यान दिल्ल्यान म्हायती प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान ३५.5 अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान27.4 अंश सेल्सियस नोंद जालां.फुडले स दीस गोंयांतलें चडांत चड तापमान ३५अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणें तापमान २७ अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.